**प्रजासत्ताक दीस देशाच्या विविधतायेत एकता दर्शयता - आलेक्स सिक्वेरा**

ता. 26 जानेवारी 2025

प्रजासत्ताक दीस देशाच्या विविधतायेत एकता दर्शयता. भारताचे नागरिक प्रजासत्ताक दीसा देशाचे संविधान स्विकारिल्ल्याचो उत्सव मनयतात, अशें कायदो आनी न्यायमंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा हांणी आयज मडगांवा दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालय प्रकल्पात आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत उलयतना सांगलें..

श्री. आलेक्स सिक्वेरा हांणी लोकांक प्रजासत्ताक दिसाची परबीं भेटयतना सांगलें, ह्या वर्सा प्रजासत्ताक दीस "स्वर्णिम भारत, दायज आनी विकास" ह्या संकल्पनेचेर मनयतात. संविधान स्विकारून आमचो देश सार्वभौम राष्ट्र जाले. संविधानान देशाच्या नागरिकांक स्वातंत्र्य, समानताय, न्याय, आनी भावपणाच्या अधिकाराची खात्री दिल्या, अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशान साधनसुविधांच्या मळार तोखणायेची उदरगत केल्या. गोंय सरकारय मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सांवत हांच्या फुडारपणा खाला राज्याची नेटान उदरगत करता. सरकारान समाजातल्या प्रत्येक घटकाच्या उदरगती खातीर विंगड विंगड येवजणो चालीक लायल्यात, जांव मागीर तो शेतकार, ल्हान वेवसायिक, सामान्य नागरिक वा विद्यार्थी आसू. अशें श्री. सिक्वेरा हांणी सांगलें.

सुरवातीक सिक्वेरा हांणी पुलीस, होमगार्ड आनी विद्यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

सुवाळ्यात पुलीस, होमगार्ड पंगडा सयत दामोदर कॉलेज, मडगांव, कार्मेल कॉलेज,नुवे, महिला नुतन हायस्कूल,मडगांव, रविंद्र केळेकर ज्ञानमंदीर, रोझरी इंग्लिश हायस्कुल, सेंट जोसेफ हायस्कुल, जवाहर नवोदय विद्यालय, काणकोण, सेंट तेरेजा हायस्कुल, रायच्या विद्यार्थी पंगडाचे संचलन जाले. तशेंच हायस्कुलांच्या विद्यार्थ्यांनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो. उत्कृश्ट संचलन आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केल्ल्या विद्यार्थी पंगडांक इनामां भेटयली.

आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर, जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, पुलीस अधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत, स्वातंत्र्य सैनिक आनी सरकारी अधिकारी सुवाळ्यात उपस्थित आशिल्लें.

श्री. अनिल पै हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/99

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.